**गोंयांत फाल्या जी-20 उर्जा कार्यगट आनी मंत्र्यांची बसका**

ता. 21 जुलय 2023

गोंयांत फाल्या जी-20 उर्जा कार्यगट आनी मंत्र्यांची म्हत्वाची बसका जावपाची आसून बसकेची सगळीं तयारी पुर्ण जाल्ली आसा. जागतिक उर्जा क्षेत्रांतल्या आव्हांनांचेर चर्चा करपाक आनी उर्जा क्षेत्राच्या शाश्वत विकासा खातीर सहकार्य वाडोवपा खातीर जी-20 वांगडी देशांचे उर्जामंत्री ह्या बसकेत सहभागी जातले. जी-20 उर्जा मंत्र्यांच्या बसकेत जागतिक उर्जा क्षेत्रांतल्यो समस्यां, नवीन उपाय सोदप आनी हेर संबंदीत प्रस्नांचेर चर्चा जातली.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयांत जावपी जी-20 उर्जा मंत्र्यांच्या बसकेच्या आयोजनाचेर समाधान उक्तावन आमच्या देशान नितळ आनी शाश्वत उर्जा विकासाखातीर केल्ले उपाय आनी प्रयत्नांची म्हायती जगाक करून दिवपीची ही बरी संद आशिल्ल्याचे म्हणला. बसकेतली सकारात्म चर्चा आनी विचारांतल्यान उर्जा क्षेत्रात नवीन उपाय फुडें येतले आनी हरीत उर्जा विकासाक प्रोत्साहन मेळटले, अशी आस्त आसा. जी-20 वांगडी देशांचे उर्जामंत्री आनी प्रतिनिधींक येवकार दिवपाक सैमीक सोबीतकाय लाभिल्ले आनी विकासाच्या मार्गार नेटान वाटचाल करपी गोंय राज्य सज्ज आसा.

शिश्टाचार सचीव आनी जी-20 गोंय बसकेचे नोडल ऑफिसर संजीत रॉड्रिग्स हांणी जी-20 उर्जा मंत्र्यांची बसका गोंयांत आयोजीत करपाची संद दिल्ल्या बद्दल आंतरराष्ट्रीय समुदायाचे काळजातल्यान उपकार मानल्यात.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/582

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.